# राज्यपाला हस्तुकीं तिष्या श्री हांच्या पुस्तकाचे प्रकाशन

पणजीः ता. २९ ऑक्टोबर २०१८

कार्तिक ७, १९४०

गोंयच्यो राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा हांच्या हस्तुकीं आयज राजभवनार एमबीबीएसच्या पयल्या वर्सांत शिकपी बिहारचे 19 वर्सा पिरायेची विद्यार्थीनी कु. तिष्या श्री हांच्या “ड्रिम ब्रिजीस सक्सेस” ह्या पुस्तकांचे प्रकाशन जाले.

माजी केंद्रीय मंत्री डॉ. राम कृपाल सिन्हा, लेखिकेचे पालक श्रीमती सुचित्रा सुमन आनी डॉ. सुभाष चंद्र सिंग, राज्यपालांचे विशेश अधिकारी श्री. रुपेश कुमार ठाकूर, श्री. गौरीश धोंड ह्या कार्यक्रमाक हाजीर आसले.

राज्यपालांन ह्या वेळार उलयतना आपल्या भाशणांत, युवा लेखिकेक परबीं भेटयली आनी बाकीच्या तरणाट्यांनी तांचे कडल्यान बरोवपाची प्रेरणा घेवंची अशें सांगले. हे पुस्तक म्हळयार सकारात्मकता, आत्मविश्वास, म्हत्वाकांक्षा आनी यशाचे मिश्रण जावन आसा. आपलो आत्मविश्वास वाडोवंक प्रत्येकान हे पुस्तक वाच्चें आनी तांतूतल्यान स्फूर्त घेवंची अशें राज्यपालान म्हळें.

पुस्तक बरोवंक म्हाका सरभोंवतणच्या वातावरणातल्यान प्रेरणा मेळ्ळी. म्हजे घरचेंच म्हजे बरें इश्ट जावन आसा आनी तांणी दिल्ले संस्कार आनी मुल्यां अनमोल आसा. ह्या पुस्तकांत दोन वैजकी विद्यार्थ्यांनी चालंत परिस्थितींत ध्यैर्य, कठोर परिश्रम, आनी चिकाटीच्या बळार यश कशें मेळयले हांचे वर्णन केल्ले आसा, अशें कु. तिष्या श्री हांणी सांगले.

डॉ. सुभाष चंद्र सिंग हांणी येवकार दिवन, लेखिके विशीं म्हायती सांगली. डॉ. आर. के. सिन्हा हांचेय ह्या वेळार उलोवप जाले. श्री. मनमोहन हांणी सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. श्री प्रकाश हांणी उपकारांचे उलोवप केले. गोंय विद्यापिठाचे विद्यार्थी ह्या कार्यक्रमाक हाजीर आसले.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/माधा/बिंभ/**२०१८/१७११